राजश्री कामत  राष्ट्रीय खबरो  28.10.2025 @ 8.40 am

आयज नवी दिल्लीच्या भारत मंडपांत सुरू जावपी आंतरराष्ट्रीय सौर युतीचे बसकेच्या आठव्या सत्रात राष्ट्रपती  द्रौपदी मुर्मू मुखेल उलोवप करतली

फाल्यां मुंबयंत जावपी मेरीटाईम लीडर्स परिशदेंत प्रधानमंत्री नरेंद्र मोदी उलोवप करतले

४ दिवस चालपी छठ पूजेचो  समारोप आज जातलो

आयज बंगालच्या खाडींत मोंथा चक्रीवादळ चड खर चक्रीवादळांत रूपांतरित जावपाची शक्यताय आसा.

संवसारीक कुस्ती सर्तीत भारतीय कुस्तीगीर सुजीत कालकलान दादल्यांच्या फ्रीस्टाइल 65 किलो वजनी विभागांत भांगरा पदक जिकले

मुरमू 80

आयज नवी दिल्लीच्या भारत मंडपांत सुरू जावपी आंतरराष्ट्रीय सौर युतीचे बसकेच्या आठव्या सत्रात राष्ट्रपती  द्रौपदी मुर्मू मुखेल उलोवप करतली. नवी आनी नवीकरणीय उर्जा मंत्री प्रल्हाद जोशीय आयएसएच्या उक्तावण सत्रात उलोवप करतले. चार दिसांच्या जागतीक कार्यावळींत 124 देश आनी संवसारभरांतले 40 वयर मंत्री हाजीर आसतले. ह्या कार्यावळींत जागतीक  समुदायाक एकठांय हाडून सहकार वाडोवपाक आनी उज्ज्वल आणि शाश्वत फुडारा खातीर सौर आपणावपाक गती दिवपाक एकठाय आयल्यात. सत्रां वेळार वांगडी देश प्रगतीचो नियाळ घेतात,

आव्हाना विशी उलयतात आनी सगळ्यां खातीर परवडपी सौर उर्जेच्या दृश्टीकोना कडे कृती कृती संरेखित करतात.

PM 70

फाल्यां मुंबयंत जावपी मेरीटाईम लीडर्स परिशदेंत प्रधानमंत्री नरेंद्र मोदी उलोवप करतले. ह्या वेळार ते इंडिया मेरीटाईम वीक 2025 च्या जागतीक मेरीटाईम सीईओ फोरमचे अध्यक्षपदारुय आसतले .प्रधानमंत्याच्या सहभागांतल्यान सागरी अमृत काल व्हिजन 2047 च्या अनुरूप आशिल्ल्या महत्वाकांक्षी, फुडाराक आदारीत दर्या परिवर्तना खातीर ताची खोल वचनबद्धताय दर्शयता. ही कार्यावळ ही कृतींत रुपांतरीत करपाक एक मुखेल जागतीक माची म्हूण काम करता, जाका लागून जहाज येरादारी, बंदरां, जहाज बांदनी , क्रूझ पर्यटन आनी ब्लू इकॉनॉमी अर्थीक मळावेल्या भागधरकाक एकठाय हाडतात

SHAH 130

मजगती केंद्रीय गृहमंत्री आणि सहकार मंत्री अमित शहा हाणी काल मुंबईत इंडिया मेरीटाईम वीकचे उक्तावण केले. हे वेळार उलयताना ताणी म्हणले byte

हे कार्यावळीक केंद्रीय बंदर, जहाज आनी उदका मार्ग मंत्री सरबानंद सोनोवाल महाराष्ट्राचे मुखेलमंत्री देवेंद्र फडणवीस, गुजरातचे मुखेलमंत्री भूपेंद्र पटेल, ओडिशाचे मुखेलमंत्री मोहन चरण माझी तशेच गोयचे मुखेल मंत्री दो प्रमोद सावंत आशीले. गोंय राज्याक गिरेस्त दार्यादेग वाठार फावो जाला. गिरेस्त दर्यावेल्या दायजाक लागून गोंय आयज परंपरा, तंत्रगिन्यान, आनी टिकावूपण हांचे परिपूर्ण मिश्रण दाखयता अशे हे वेलार उलयताना मुखेलमंत्री दोतोर प्रमोद सावंत हांणी म्हणले भारताच्या दर्यामदी गोंय राज्याची म्हत्वाची भुमिका दाखोवपाचो गोंय व्हड अभिमान बाळगता आनी ताच्या सागरमाला, पीएम गति शक्ती, आनी दर्यावेळ व्हिजन 2030 वरवीं बंदर, जहाज आनी उदकामार्ग मंत्रालयाच्या आदारान गोंयच्या

दर्यावेल्या परिदृश्यांत जोडणी, गुंतवणूक, आनी तरणाट्यांच्यो संदी वाडल्यात अशें मुखेलमंत्र दोतोर प्रमोद सावंत हांणी सांगलें.

EC 130

भारतीय वेंचणूक आयोग ECI, 12 राज्यांनी आनी संघराज्य केंद्रशासित प्रदेशांमदी मतदार वळेरीच्या विशेष सघन पुनरावृत्ती (SIR) चो दुसरो टप्पो राबयतले आनी ताची निमाणी वेंचणूक वळेरी 7 फेब्रुवारी 2026 दिसा प्रकाशित जातली.नवी दिल्लींत पत्रकार परिशदेंत उलयतना मुखेल वेंचणूक आयुक्त ज्ञानेश कुमार हांणी सांगलें की हे प्रक्रियेंत आंदमान आनी निकोबार जुंवे, छत्तीसगड, गोंय, गुजरात, केरळ, लक्षद्वीप, मध्य प्रदेश, पुडुचेरी, राजस्थान, तमिळनाडू, उत्तर प्रदेश आनी अस्तंत बंगाल आसपावतात . वेंचणूक आयोगाच्या म्हणण्या प्रमाण छापणावळ आनी प्रशिक्षण 28 ऑक्टोबर ते 3 नोव्हेंबर मेरेन जातलें, उपरांत नोव्हेंबर ते 4 डिसेंबर मेरेन मतगणनेचो टप्पो जातलो.वेंचणुकेचो मसुदो 9 डिसेंबराक उजवाडायतले, उपरांत 9 डिसेंबर ते 8 जानेवारी 2026 मेरेन दावे आनी हरकती खातीर वेळ आसतलो.अधिसुचोवणी टप्पो (सुनावणी आनी सत्यापना खातीर) 9 डिसेंबर ते 31 जानेवारी 2026 मेरेन जातलो, जाल्यार निमाणी वेंचणूक वळेरी 7 फेब्रुवारी 2026 दिसा प्रकाशित जातली. गोंयचे मुखेल मंत्री प्रमोद सावंत हाणी हाका एवकार दितना स्वच्छ अनि पारदर्शक मतदार वलेरी ही लोकशायेची बुनयाद अशे म्हणला

राजनाथ 80

संरक्षण मंत्री राजनाथ सिंह यांनी नवी दिल्लीत जाल्या SIDM वार्षिक परिषदेत उलयताना देशाच्या संरक्षण उत्पादनात खाजगी क्षेत्राच्या वाढत्या सहभागार उजवाड घालो आणि सांगले की भारताची संरक्षण निर्यात आता विक्रमी २३ हजार ५०० कोटी रुपयां मेरेन पावल्या. मंत्र्यांनी अधोरेखित केले की देशाचे देशांतर्गत संरक्षण

उत्पादन १.५ लाख कोटी रुपयांपरस चड  विक्रमी उत्पादन जाला आणि खाजगी क्षेत्राकडच्यान ३३ हजार कोटी रुपयांपरस चड  रक्कम मेळटा.ऑपरेशन सिंदूरच्या यशाचे कौतुक करताना, मंत्र्यांनी उद्योग झुजाऱ्यांची नावीन्य .पूर्णता, डिझाइन आणि उत्पादन या क्षेत्रात अथक परिश्रम केल्याबद्दल कौतुक केले.

छट 70

४ दिवस चालपी छठ पूजेचो  समारोप आज उगवत्या सूर्याक  अर्घ्य अर्पण करून जातलो, जाका उषा अर्घ्य म्हणतात. उषा अर्घ्य हो उत्सवाचो निमाणो आनी म्हत्वाचो विधी मानतात. ह्या दिसा न्हंय, तळीं वा जलाशयांनी भाविक  जमून उदेत्या सुर्याची प्रार्थना करतात, उपकार मानतात आनी भलायकी, समृध्दी आनी कल्याणा  खातीर आशीर्वाद मागतात. उदेत्या सुर्याक निमाणे  अर्घ्य अर्पण केल्या उपरांत भक्त प्रसाद आनी उदक पियेवन 36 वरांचो उपास सोडटात - हो विधी पारण ह्या नांवान वळखतात. हे उपरांत छठ व्रताची सांगता जाता

क्विझ 70

प्रधान मंत्रीनरेंद्र मोदी यांनी देशातल्या तरणाट्यांक विकसित भारत क्विझ स्पर्धेत सहभागी जावपाचे आवाहन केला. सोशल मीडिया पोस्टत  मोदी हांणी म्हणाले की, विकसित भारत यंग लीडर्स डायलॉग २.० ही देशातल्या तरणाट्यांक राष्ट्र उभारणीत योगदान दिवपाची एक उत्तम संध आसा.  तरणाट्यांचे विचार आणि अंतर्दृष्टी विकसित भारत उभारणीचो मार्ग मेकळो करू शकतात. लोक या महिन्याच्या ३१ तारखे मेरेन  क्विझात सहभागी जावंक शकतात. विकसित भारत क्विझची समाप्ती फुडल्या वर्सा १० ते १२ जानेवारी मजगती जातली

माथांगी 120

फामाद प्लास्टिक सर्जन के. माथांगी रामकृष्णन वयाच्या ९१ व्या वर्सा संसाराक अंतरली. त्यांच्या कुटुंबियांनी सांगले की तांका वयोमाना प्रमाण मरण आयले.

प्लास्टिक सर्जरीत अग्रेसर आशिल्ली ह्या दोतो रान चेन्नईच्या सरकारी किलपॉक मेडिकल कॉलेजीन एक स्वतंत्र विभाग आणि बर्न्स युनिट स्थापन केले. १९३४ त जन्मल्या डॉ. माथांगीनी चेन्नईच्या मद्रास मेडिकल कॉलेजीतल्यान एमबीबीएस पूराय केले. त्यांनी युनायटेड किंग्डम आणि मेरीलँड, युनायटेड स्टेट्स हांगा प्लास्टिक आणि पुनर्रचनात्मक शस्त्रक्रियेचे प्रगत प्रशिक्षण घेतले. सेंट्रल लेदर रिसर्च इन्स्टिट्यूट वांगडा ऐतिहासिक सहकार्यान त्यांनी बर्न जखमेच्या आवरणा खातीर एक नाविन्यपूर्ण कोलेजन मेम्ब्रेन विकसित केलो जो मर्यादित संसाधनांमदी जखमेच्या व्यवस्थापनात क्रांती घडोवन हाडपी एक उपक्रम आशिल्लो संशोधनात त्यांनी दोन पेटंट घेतले. २००२ वर्सा तांका पद्मश्री पुरस्कार फाव जालो आणि प्लास्टिक सर्जरी आणि पुनर्वसन उपचारांमदी त्यांच्या उल्लेखनीय योगदानाबद्दल त्यांना खुप प्रशंसाय मेळली

आयआयटी 30

शैक्षणिक संशोधन, विकास, प्रशिक्षण आणि तंत्रज्ञानाचे एकत्रीकरण मजबूत करपाक राष्ट्रीय शैक्षणिक संशोधन आणि प्रशिक्षण परिषदेन नवी दिल्लीत आयआयटी-मद्रास वांगडा समजीकायेच्या कबलातीचेर सय केल्या. शिक्षण मंत्रालयान एका निवेदनात म्हणला की ही कबलात शिक्षणात नवोपक्रमाच्या दिशेन.एक पाऊल आसा.

सिंधिया 45

केंद्रीय ईशान्य प्रदेश विकास मंत्री ज्योतिरादित्य सिंधिया यांनी ईशान्य प्रदेशात कृषी-फलोत्पादन विकासावेल्या उच्च-स्तरीय कार्य दलाच्या दुसऱ्या बसकेत व्हर्च्युअल पद्धतीन भाग घेतलो. सोशल मीडिया पोस्टत सिंधिया हाणी म्हणाले की, बसकेत ईशान्येकडच्यो कृषी-फलोत्पादन परिसंस्था मजबूत करपाक कृतीयोग्य धोरणांर चर्चा जाली, जातुन मूल्यवर्धन, बाजारपेठेतले दुवे आणि शाश्वत विकासा खातीर एकात्मिक नियोजन हाचेर लक्ष केंद्रित केले.

वादळ 30

आयज बंगालच्या खाडींत मोंथा चक्रीवादळ चड खर चक्रीवादळांत रूपांतरित जावपाची शक्यताय आसा. भारतीय हवामान खात्याच्या म्हणण्या प्रमाण आयज रातीं काकीनाडा लागसार मछलीपट्टणम आणि कलिंगपट्टणम हांचे मदी आंध्र प्रदेश दर्यादेगेर मोंथा धडकपाची शक्यताय आसा.

Sports 25

काल सर्बियांत जाल्ले 23 वर्सां सकयल्या संवसारीक कुस्ती सर्तींत भारतीय कुस्तीगीर सुजीत कालकलान दादल्यांच्या फ्रीस्टाइल 65 किलो वजनी विभागांत भांगरा पदक जिखून उझबेकिस्तानाच्या उमिदजोन जालोलोव्हचो 10-0 असो पराभव केलो.